गोंय सरकार
म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें
पणजी-गोंय
पत्रक

**उद्देगीक कामगारांखातीर कामगार कल्याण मंडळाच्यो येवजण्यो**

ता. 19 जून 2018
29 ज्येष्ठ 1940

राज्यातल्या उद्देगीक कामगारांच्या फायद्याखातीर गोंय कामगार कल्याण मंडळावतीन साबार येवजण्यो राबोवपात येता. कामगारांच्या शाळेत वचपी भुरग्यांखातीर चोपडयो, पुस्तका, गणवेश खरेदी करपाखातीर अर्थिक मजत, शाळा आनी महाविद्यालयांनी शिकपी भुरग्यांक शिश्यवृत्ती, चली विद्यार्थीनीक शाळा महाविद्यालयातल्या हजेरी प्रमाण 5 वी वर्गासावन फुडल्या खंयच्याय क्षेत्रातल्या शिक्षणामेरेन अर्थिक मदत, धावी सावन मंडळाच्या वा विद्यापीठाच्या निमण्या परीक्षेत घेतिल्ल्या गुणांच्या आदाराचेर कामगारांच्या भुरग्यांक आर्थिक मदत, क्षयरोग उपचाराखातीर मदत दितात. शिक्षणिक येवजणांचो लाव घेवपाखातीर अर्ज करपाची निमणी तारीख 30 सप्टेंबर 2019 अशी आसा.

तशेच मंडळावतीन उद्देगीक आस्थापनां, कामगार कल्याण केंद्रा, क्लब, मनोरंजन केंद्राक टी.व्ही. संच पुरवण, कामगाराखातीर वकला खरेदी करपाक, महिला कामगाराक जल्मल्ल्या भुरग्यांची काळजी घेवपाक रजा, स्त्री सखी येवजणेखाला सॅनीटरी नॅपकिन पुरवण येवजण, खेळ आनी सामाजिक-सांस्कृतिक कार्यक्रम आयोजनाखातीर मदत, सहल वा अभ्यास दौ-याखातीर अर्थिक मदत येवजण, पाळणाघर सुविधाखातीर मदत, मनोरूग्ण भुरग्यांच्या उपचाराखातीर मदत, वाचनालय/आनी हेर सुविधाखातीर अर्थिक मदत दिवपाच्यो येवजण्यो राबोवपात येता.

हया येवजणांचो लाव घेवपाखातीर कामगारांनी आपल्या मालकामार्फत सचिव, गोंय कामगार कल्याण मंडळ, श्रमशक्ती भवन, पाटो-पणजी हया नाम्याचेर अर्ज करचे.

मा/वाप/एनजी/जॉआ/विगा/सुसुका/2019/334